Panaji Regional 20th December 2025 7.25am

ZP - 70

उत्तर आनी दक्षीण गोंय मेळून जिल्हो पंचायतीच्या 50 मतदारसंघां खातीर आयज शेनवारा 20 डिसेंबराक मतदान जातलें. मतपत्रिकेच्या आदारान सकाळीं 8 ते सांजेच्या 5 वरां मेरेन मतदान जातलें. दोनूय जिल्हो पंचायतींत मेळून 226 उमेदवार रिंगणांत देंवल्यात. मतदारांचो आंकडो 8 लाख 69 हजार 356 आसा. हे फावट भाजप, गोवा फोवर्ड, आप, तशेचं रेव्हुलेशनरी गोवन्स ह्या पक्षासयत , अपक्ष उमेदवार जिल्हो पांचयत वेंचणुकेत देवल्यात. वेंचणुकेची मतमेजणी फुडल्या सप्तकात 22 डिसेंबराक म्हणल्यारुच मंगळारा जातली.

Liberation day - 120

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी काल ताळगांव पठाराचेर गोंय विद्यापिठाच्या मैदानाचेर आयोजीत राज्य पांवड्यावयल्या गोंय मुक्ती दीस सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयलो. ह्या वेळार जनतेक उद्देशून उलयतना मुख्यमंत्र्यानि पोर्तुगीज राजवटीतल्यान गोंयांक मुक्त करपा खातीर आपल्या जीणेचो त्याग केल्ल्या स्वातंत्र्य सैनिकांक आनी हुतात्म्यांक नमन करून तांच्या उगडासाक आर्गां ओपली. विकसित भारत 2047 करतना गोंय राज्याक 2037 मेरेन विकसित गोंय करपाचे आवाहन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी गोंय मुक्तीदिसाच्या शासकीय कार्यावळीत उलयताना गोंयकारांक केला.गोंयच्या गिरेस्त दायजांक सामाळपाक, तशेचं गोंय नितळ, सोबित आनी पाचवेचार दवरपाक प्रत्येक गोंयकाराक कर्तव्य आनी जापसालदारकीन वागचे अशेय आवाहन ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान समेस्त गोंयकारांक केला.

Byte

सुवाळ्याक महसूलमंत्री आतानासियो मोन्सेरात, विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमांव, मुख्य सचीव डॉ व्ही कांडावेलू, एडव्होकेट जनरल देवीदास पांगम, हेर सरकारी सचीव, अधिकारी, विद्‍यार्थ्यी आनी नागरीक उपस्थित आशिल्लें.

Margao - 115

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या विकसीत भारत आनी मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांच्या स्वयंपूर्ण गोंयचीं सपनां साकार करपा खातीर गोयच्या सगळ्या लोकांनी एकठांय येवन फुडाकार घेवप गरजेचें अशें भौशीक बांदकाम मंत्री दिगंबर कामत हांणी काल गोंय मुक्ती दिसा प्रसार माध्यमांकडेन उलयताना सांगलें. मात वेचणूक आचार संहिता आशिल्ल्यान ताणी अधिकृत भाषण करूंक ना.

भारत एक सुपर पॉवर आनी संवसारांतलो सगळ्यांत बरो देश जावचो ही सगळ्या देशांतल्या लोकांची इत्सा आसा आनी ही इत्सा पुराय करपा खातीर यत्न करचे पडटले अशें तांणी सांगलें.

दक्षिण गोंय जिल्लो प्रशासन इमारतीच्या आवारांत गोंयच्या 64व्या मुक्ती दिसा निमतान बावटो उबारल्या उपरांत कामत हांणी सलामी स्वीकारली आनी उपरांत पुलीस पंगड, होमगार्ड आनी एनसीसी कॅडेट आनी शाळेंतल्या विद्‍यार्थ्यांची, आनी उजो पालोवपी दळाच्या पंगडाची परेड पळोवणी केली.

BJP PC - 60

भाजपाचे नवे राश्टीय कार्याध्यक्ष म्हण नितीन नवीन हांची हालीच नेमणूक जाल्या.नितीन नवीन हांका गोय राज्याचे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत आनी गोंय भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक हांणी परबी भेटयल्या.भाजपाची विचारसरणी आनी पक्षातल्या ज्येश्ठ फुडाऱ्याच्या मार्गदर्शनाखाला बरी कार्यपद्‍धती नितीन नवीन मुखार वरतले आनी विकसित भारत करपाच्या नदरेतल्यान काम करतले असो विस्वास दोनुय मानेस्तानी ह्यावेळार उक्तायलो.पणजे भाजप मुख्यालयात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदे वेळार ते उलयताले.

Rashmi 100

राज्यसभा खासदार सदानंद शेट तनावाडे हांणी केंद्रीय युवा वेव्हार आनी खेळ मंत्री डॉ.मनसुख मांडाविया हांका गोंयची खेळा मळावेली साधन सुविधांची उदरगत करची असी मागणी करपी निवेदन भेटयला. ह्या निवेदनाच्य माध्यमातल्यान तानावाडे हांणी तायक्वोंडो , बॅडमिंटन, टेबल टेनिस, टेनिस, स्क्वास, पिकलबॉल, ह्या खेळांत भारताची कामगिरी स्थिरपणान सुदारत आसा आनी गोंयांत वर्सान वर्स जायते प्रतिभावान खेळगडे तयार जाल्यात अशें मंत्री मनसुख मांडविया हांच्या नदरेक हाडला. गोंयांतल्या एस.ए.आय प्रशिक्षण केंद्रांत तायक्वोंडो परतून सुरू करपाचो विचार करचो आनी सद्याचे सुविधा प्रभावीपणान वापरून बॅडमिंटन, टेबल टेनिस, टेनिस, स्क्वास आनी पिकलबॉल अशा मुखेल रॅकेट खेळां खातीर उत्कृश्टताय केंद्रां स्थापन करची अशी विनंती तांणी मंत्र्यांक केल्या.

Jan 50

गोंय माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शिक्षण मंडळान कांय बदलां सयत बारावेच्या परीक्षेचे अंतीम वेळापत्रक नव्यान जाहीर केलां. ही परीक्षा १० फेब्रुवारी ते २७ फेब्रुवारी २०२५ मजगती जातली. ह्या परीक्षे संदर्भातले सगळे नेम आनी अटी मंडळान आपल्या संकेत थळाचेर जाहीर केल्यात. परीक्षा दर दिसा सकाळी ९. ३० वरांचेर सुरू जातली.

वेदर 20

गोय वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण काल पणजेत चंडांत चड तापमान ३2.7 डिग्री सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे 18.1 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.

Sports - 40

गोंय आनी चंदीगड हांचे मदली कूच बेहार ट्रॉफी सर्तीतली चार दिसांची मॅच अपेक्षे प्रमाण बादाबाद उरली. पर्वरीच्या जीसीए अकादमी मैदानाचेर मॅच जाली. गोंयाक बादाबाद उरिल्ल्यान एक गूण जाल्यार चंदीगडाक पयल्या डावांत आघाडी घेतिल्ले खातीर तीन गूण फावो जाले.